**लोकनाच, संगीत पंगडांखातीर निवड चाचणी ता. 19 ते 21 जुलय मेरेन**

ता. 2 जुलै 2018
11 आषाढ 1940

कला आनी संस्कृती संचालनालयान ता. 19,20 आनी 21 जुलय 2018 दिसा राजीव गांधी कला मंदिर, फोंडा हांगा लोकनाच, लोकसंगीत, लोकगीत पंगडांखातीर निवड चाचणी आयोजित केल्या. इत्सूक पंगड मुखेली, कलाकारांनी अर्ज आनी चड माहितीखातीर कला आणि संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पाटो-पणजी, रविंद्र भवन, कुडचडे, रविंद्र भवन मडगाव, रविंद्र भवन बायणा-वास्को, रविंद्र भवन, साखळी आनी राजीव गांधी कला मंदिर फोंडा हांगा संपर्क करचो. पुराय भरिल्ले अर्ज ता. 12 जुलय 2018 मेरेन सुपूर्द करपाक जाय.

पंगडांनी पारंपारिक लोकनाचातले उत्कृश्ट चार प्रकार पारंपारिक भेस आनी वाद्यासयत सादर करपाक जाय. खंयच्याच कलाकारांक एका परस चड पंगडांनी वाटो घेवपाक मेळचो ना. निवड चाचणी सकाळी 9.00 ते सांजेच्या 6.00 मेरेन घेतले. निवड चाचणी पळोवपाक लोकांक फुकट प्रवेश आसतलो. निवड जाल्ल्या पंगडांक राज्यात, राज्याभायर तशेंच आंतरराष्ट्रीय कार्यक्रमांनी वाटो घेवपाक मेळटलो.